Panaji Regional 6th December 2025 7.25am

रश्मी 100

राज्यातल्या बांयला आनी चलयांच्या सुरक्षैच्या फांटभुयेर आता गोंय महिला आनी भुरगी विकास खात्यावतीन राज्यातल्या अंगणवाडीनी आत्मरक्षणाचे धडे दीवपी खासा मोहिम चालीक लायतले अशी म्हायती  मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दील्या. बायलांक सुरक्षा दीतना स्वतचेर केन्ना वायट प्रसंग आयलो जाल्यार आत्मरक्षण कशे करप हे वीशी प्रशिशण दीवपी कार्यशाळा कांय अंगणवाडीनी सुरू जाल्या आनी ह्या कार्यशाळेक बायलां तशेंच चलयांकडल्यान उपाट प्रतिसाद मेळटा अशे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हणला.

सशक्त नारी ही मोहिम देशभर चालीक लायतना बायलांची सूरक्षेक लेगीत महत्व आसा,तांका   आत्मनिर्भर ,सक्षम आनी निडर करपाच्या वचनाक कटीबद्ध आसताना भाजपाच्या सरकारान हो महत्वाचो उपक्रम चालीक लायला अशे  राणे हांणी म्हणला.

Subhash – 100

केंद्रीय घर मंत्रालयान २०२५ वर्साखातीर गोंयच्या दिवचल पुलीस स्थानकाक भारतांतल्या पांचव्या क्रमांकांचे उत्कृश्ठ पुलीस स्थानक म्हणून जाहीर केलां.

दिवचल पुलीस निरीक्षक विजय राणे, उपअधीक्षक श्रीदेवी बी. व्ही. आनी तेन्नाचे पुलीस अधीक्षक राहुल गुप्ता हांच्या फुडारपणा खाला दिवचल पुलीस स्थानकान गुन्यांवकारी नियंत्रण आनी सोदांत उत्कृश्ठ कामगिरी केल्ली. तशेंच फाटल्या स म्हयन्यांत पुलीस स्टेशनांत मुळाव्या सुविधांनीय वाड केल्ली.

भुरग्यां खातीर कूड. जिम, कर्मचाऱ्यां खातीर दर्जेदार कॅन्टीन, नितळसाण बॅरेक्स आनी हेर गजालींचो हातूंत आसपाव आसा. सप्टेंबरांत घर मंत्रालयाच्या खासा पंगडान केल्ल्या सर्वेक्षणांत ह्या सगल्या निकशांचो विचार केल्लो. दिवचल पुलीस स्टेशनाक राष्ट्रीय पांवड्यार मेळिल्ली मान्यताय ही गोंय पुलीस आनी गृह विभागा खातीर अभिमानाची गजाल आसा अशें मानतात.

रश्मी ४०

गोंय सरकाराच्या  म्हायती तंत्रज्ञान आनी पर्यटन खत्यान सरला एव्हिएशन प्रायव्हेट लिमिटेड वांगडा  साम्जीकायची काबलात केल्या . हे वरवी पर्यटन

आनी तंत्रज्ञान माळर नवी शिमो उक्तुओ जातल्यो. राज्यांत प्रगत डिझायन आनी उदरगत केंद्र स्थापन करपाची आनी गोंयच्या फुडाराच्या पर्यटन आनी हालचालीच्या परिदृश्यांत प्रणालींचो आस्पाव करपाची बुन्याद ह्या काबलातल्यान जाता.
पट्टोच्या पर्यटन भवनांत जाल्या ह्या कार्यावालिक मानादीक म्हायती आंनी तंत्रज्ञान , आनी पर्यटन मंत्री रोहन खाव्नते म्हायती आंनी तंत्रज्ञानत खात्याचे संचालक कबीर शिरगांवकार, पर्यटन खात्याचे संचालक केदार नायक आनी हेर मानेस्त ह्यावेलर हाजीर आशील्ले .

SIR ९०
गोयात मुख्य वेचणूक अधिकारी (सीईओ) कार्यालयान काल जाहीर केल्ल्या प्रमाण, दनपारा ४ मेरेन, एकूण 99.61% म्हळ्यार 11,80,421 गणना फॉर्म एकठाय केलात आणि त्यांचे डिजिटायझेशन केला. - जे राज्याच्या मतदार वळेरीच्या चालू आशिल्या विशेष सघन पुनरावृत्ती (एसआयआर) चो भाग म्हणून सध्या राज्यांत ११,८५,०३४ मतदार आसात - मुख्य वेचणूक अधिकारी कार्यालयान सगळ्या मतदारांक विनंती केल्या की ज्यांनी अजुन त्यांचे गणना फॉर्म सादर करूंक ना त्यांनी ते बेगीनात बेगीन करचे, गणना फॉर्म सादर करपाची निमणी तारीख ११दिसिम्बेर मेरेन वाड्यल्या . अधिक सोयी खातीर, मतदार त्यांचे गणना फॉर्मvoters.eci.gov.in या संकेत थलावरवी ऑनलाइनसादर करू शकतात.
गोंय विद्यापीठातील राज्यशास्त्राचे सहाय्यक प्राध्यापक प्राध्यापक रावजी गांवकार हाणी मतदार वालेरीत खाशेल्या पडताळनी वीशी म्हायती दिली .

Sir 70
जिल्लो पंचायत वेंचणुके खातीर भाजपान आतां मेरेन 40 उमेदवार जाहीर केल्यात सात जाग्यांचेर अपक्षांक तेंको दितले जाल्यार मगोक तीन सुवाती मेळ्ळयात अशी म्हायती भाजपाचे प्रदेशाध्यक्ष दामोदर हाणी दिली.
हवामान - 20

गोय वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण काल पणजेत चडात चड तापमान ३३.६ औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे  तापमान २४.७  औंश  सेल्सिअस नोंद जाला.

Sports – 90

28 नोव्हेंबर ते 1 डिसेंबर 2025 मेरेन जाल्ल्या खेळो इंडिया युनिव्हर्सिटी खेळा सर्तींत गोवा विद्यापिठान दादल्यांच्या बीच व्हॉलीबॉलांत उपविजयते पद जीख्ले . चेन्नयच्या एसआरएम आयएसटीचेर 2आड 1 अशी जैत मेळोवन ह्या पंगडान लीग मोहिमेक सुरवात केली. नकआउट फेरयेंत प्रवेश मेळोवपा खातीर जाय आशिल्ल्या कठीण जैतांत गोवा विद्यापिठान कारुण्य इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नॉलॉजी अँड सायन्सेस, कोयंबटूराचर  2आड 0 अशी मात केली. आनी गटांत दुसरो क्रमांक मेळयलो.

उपांत्य फेरयेंत गोवा विद्यापिठान कोइम्बतूरच्या करपगम अकादमी ऑफ हायर एज्युकेशनाक 2 आड-0  हारयलो.पुन  फायनलींत गोवा विद्यापीठ चेन्नयच्या एसआरएम आयएसटी कडेन 2-0 अशी हार खावची पडली.